# स्वातंत्र्य दिसा निमतान तरेकवार कार्यक्रमांचे आयोजन

ता. 14 ऑगस्ट 2018

23 श्रावण 1940

72 व्या स्वातंत्र्य दिसा निमतान राज्यात तरेकवार कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येतले. राज्य पातळीवयलो मुख्य स्वातंत्र्य दिस सुवाळो पणजेच्या पोरण्या सचिवालयामुखार जातलो. सकाळी 9.15 वरांचेर जावपी स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यात गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. प्रमोद सावंत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी जनतेक उद्देशून भाशण करतले. ह्या वेळार सभापती हस्तूकीं वेगवेगळ्या मळावयल्या योगदानाखातीर पुरस्कार भेटयतले.

सभापतीचे सुवाळयाच्या थळार आगमन जालेबरोबर घरबांदणीमंत्री श्री. जयेश साळगांवकर, मुख्यसचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा आनी पुलीस महासंचालक डॉ. मुक्तेश चंदर तांका येवकार दितले.

कार्यक्रमाक मंत्रीमंडळातले वांगडी, उपसभापती श्री. मायकल लोबो, विरोधी फुडारी श्री. चंद्रकांत कवळेकर, खासदांर, आमदांर, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, ॲडव्होकेट जनरल, स्वातंत्र्यसैनिक, जिल्हा पंचायत वांगडी, सरपंच, नगरसेवक आनी हेर मानेस्त उपस्थीत रावतले.

जिल्हो पातळीचेर मडगांवा जावपी स्वातंत्र्य सुवाळयात नगरनियोजनमंत्री श्री. विजय सरेदसाय राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतलो. फोंडेच्या क्रांती मैदानार जावपी स्वातंत्र्य सुवाळयाक भौशिक बांदकाममंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतलो.

राज्यात तालूका पावड्यांचेर म्हापसा हांगा जावपी स्वातंत्र्य दिस कार्यक्रमात माहिती तंत्रज्ञानमंत्री श्री. रोहन खंवटे, वास्को हांगा जावपी कार्यक्रमात पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, पेडणे हांगा जावपी कार्यक्रमात पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, दिवचल हांगा जावपी कार्यक्रमात आमदार श्री. राजेश पाटणेकर, काणकोण हांगा जावपी कार्यक्रमात आमदार श्री. इजिदोर फर्नांडिस, केपे हांगा जावपी कार्यक्रमात आमदार श्री. निलेश काब्राल, धारबांदोडा हांगा जावपी कार्यक्रमात आमदार श्री. दिपक पाऊसकर, सांगे हांगा जावपी कार्यक्रमात आमदार श्री. प्रसाद गांवकर जाल्यार वाळपय जावपी कार्यक्रमात सत्तरीचे मामलेतदार राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

खेळा खात्यान पणजे सकाळी शाळांच्या भुरग्यांची प्रभात फेरी आयोजित केल्या.

पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाकडेन सकाळी 11.30 वरांचेर जावपी कार्यक्रमात पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर स्वातंत्र्य सैनिक आनी हेर मानेस्तांच्या वांगडा हुतात्म्यांक आर्गा ओपतले.

स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यानिमतान राजभवन, पोरणे सचिवालय, लेखा संचालनालय, पर्वरीची नव्या सचिवालय इमारतीचेर ता. 14 आनी 15 ऑगस्ट दिसा रोषणाय करतले.

15 ऑगस्ट दिसा सांजवेळा 5.15 वरांचेर राज्यपालान राजभवनार येवकार सुवाळ्याचे आयोजन केला.